Panaji Regional 2nd June 2025 7.25am

Ganesh – 100

सगळ्या हॉटेलां खातीर रूमाचेर 12 टक्के जीएसटी लागू करपाची मागणी गोवा चेंबरान केल्या. हॉटेल सयत हेर वेवसायावेल्या जीएसटीत समानताय हाडपाची मागणी गोंय चेंबरान केल्या. गोवा चेंबराचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांचे फुडारपणाखाला गोवा चेंबरान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांका निवेदन भेटयले. जीएसटी मंडळाची बसका 15 जून उपरांत जावपाची आसा. 7500 रूपया परस चड भाड्याचेर 12 टकक्यांपरस चड जीएसटी आसा. हो 12 टक्के करपाची मागणी आसा. हॉटेल, होमस्टे, वेरहाउज तशेच बांदकाम सेवांचेर आयटीसी (इंम्प्युट टॅक्स क्रेडीट) सुविधा दिवपाची मागणी आसा. बांदकाम सेवांचेर आयटीसी सवलत नाशिल्ल्यान बांदकाम वेवसायिकांक फटको बसता. हाका लागून आयटीसीचो लाव दिवचो अशी मागणी गोंय चेंबरान केल्या.

Ganesh – 125

पत्रकारिता हो लोकशायेचो चौथो खांबो आसा. पत्रकारिता लोकशाय घटमुट करता, अशें आमदार केदार नायक हांणी म्हणले.  पत्रकारितेची कला ही देवाची देण आसता. सगल्यांक पत्रकारिता करप शक्य जायना, अशें साळगांवचे आमदार केदार नायक हांणी म्हणलें. गोवा मराठी पत्रकार संघाचो पयलो वर्धापन दीस कला अकादमीत जालो. ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हूण आमदार केदार नायक उलयताले. वर्धापन दिसाच्या कार्यावळीक ज्येश्ठ पत्रकार सम्राट फडणीस, गोवा मराठी पत्रकार संघाचे अध्यक्ष वामन प्रभू, उपाध्यक्ष सुरेश नायक, सचीव सुभाष नायक, ज्येश्ठ पत्रकार गुरुदास सावळ हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार महादेव गवंडी आनी देविदास गावकार, पत्रकार विलास महाडीक, महेश गांवकार हांका पुरस्कार भेटोवन भौमान जालो.गोवा मराठी पत्रकार संघाचे आदले अध्यक्ष तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार सुरेश वाळवे हांचोय तांच्या कार्या खातीर भौमान केलो. पत्रकारिता ही समाजाभीमूख आसपाक जाय, अशें ज्येश्ठ पत्रकार सुरेश वाळवे हांणी सांगलें.

Prasad – 150

"मासिक पाळीच्या वेळार भलायके कडेन लक्ष दिवप खूब म्हत्वाचें. आमचीं दिसपट्टीं कामां आनी जापसालदारक्यो करपाक कांयच चूक नासली तरी तें टाळप

गरजेचें." स्वस्थ आहार आनी ह्या काळांत फळां आनी भाजीपालो सारकिल्या जीवनसत्वां आशिल्लो आहार भरपूर खावप खूब म्हत्वाचें अशें मातृछाया संस्था हांगा आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना दिवचलच्यो नामनेच्यो स्त्रीरोग तज्ञ डॉ कशीश पाटणेकर हानी सांगले. मासिक पाळी वेळार बायलांचे भलायके विशीं जागृताय कार्यावळ हालींच फोंड्या धवळे मातृछाया संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत केल्ली. ही कार्यावळ रोटरी क्लब डिचोली हांणी इनरव्हील क्लब डिचोली आनी इथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशनाच्या आदारान संवसारीक मासिक पाळी भलायकी दिसा निमतान घडोवन हाडली. इथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशनांतल्यान मिहिका तिवारी आनी अस्मिता सुतार हांणी पर्यावरणीय सॅनिटरी पॅड आनी तांचो वापर कसो करूं येता हाचे विशीं म्हायती दिली. रोटरी क्लबा वतीन इनरव्हील क्लब डिचोलीची अध्यक्ष अंजली दीक्षित, इथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशनाचे सहाय्यक सनतकुमार फडते, सॅम्युएल मॉटेरो आनी विपणन विभाग मुखेली मार्विन फर्नांडीस हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार इथरनेट फावंडेशनान मातरुछायांतल्या चलयांक सॅनिटरी पॅड वांटली.

**राज्यपाल - 70**

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आज आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेचो भाग म्हूण उत्तर गोंयांतल्या श्री भगवती देवस्थान, पेडणे, हुतात्मा चौक, पार्से-पेडणे, श्री कालिका देवस्थान, कासरपाल दिवचल, श्री हनुमान देवस्थान, वाळपय, जामिया मशीद, वाळपय, अवर लेडी ऑफ लोर्डिस चर्च, वाळपय आनी गुरूद्वारा, बेती ह्या धार्मिक थळांक भेट दितले. राज्यपाल आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेत धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशातल्या लोकांमदी शांतिकाय, खुशालकाय आनी कल्याणा खातीर प्रार्थना करतात.

IPL – 70

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं अहमदाबादात नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले दुसऱ्या क्वालिफायर मॅचींत पंजाब किंग्सान मुंबय इंडियन्साक 5 विकेटींनी हारोवन फायनलींत पावल घाले. मुंबई इंडियनसान दिलल्या २०४ धांवड्यांच्या जैताच्या लक्ष्याचो फ़ाटलाव करतना पंजाब किंग्जान एक ओव्हर शिल्लक आसताना पाच

बाद २०७ धांवड्यो केल्यो. हाचे आदीं मुंबय इंडियन्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी स बाद 203 धांवड्यो केल्यो.

फाल्या ह्याच सुवातेर पंजाब किंग्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू ह्या पंगडा मदि फायनलीचो खेळ जातलो.